**24th August 2025** **सकाळी - 8.40**

**आकाशवाणी पणजी केंद्रांच्या प्रादेशिक खबरा**

**मुखेल खबरो**

- **रिफॉर्म, परफॉर्म आनी ट्रान्सफॉर्म ह्या मंत्राचेर भारत देश, संवसाराक मंदींतल्यान भायर काडपाचे स्थितींत आसा, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां**
- **खोल अंतरिक्ष संशोधनाची तयारी करची, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी शास्त्रज्ञांक मारला.**
- **फिजीचे प्रधानमंत्री, सिती-वेनी लिगा-मामादा राबुका, तीन दिसांच्या भारत भोंवडेर आयज सकाळीं, नवी दिल्लीत पावले.**
- **गृहमंत्री अमित शाह आयज दिल्ली विधानसभेंत, दोन दिसांच्या अखिल भारतीय स्पिकर्स परिशदेचें, उक्तावण करतले.**
- **कझाकस्तानांत सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत, भारतान वरिश्ठ, कनिश्ट आनी तरणाटे विभागांतल्या 10 मीटर एअर रायफल मिश्र गट सर्तींत, तीन भांगरा पदकां जिखल्यात.**
- **भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत राजस्थानात, घोग्यांनी पावस पडपाचो रेड अलर्ट जारी केला.**

---

PM Economy

प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां रिफॉर्म, परफॉर्म आनी ट्रान्सफॉर्म ह्या मंत्राचेर भारत संवसाराक मंदींतल्यान भायर काडपाचे स्थितींत आसा. भारत रोखडेंच संवसारांतली तिसरी व्हडली अर्थवेवस्था जातली अशें मोदी हांणी नवी दिल्लींतल्या एका कार्यावळींत सांगलें. भारत 2047 वर्सा मेरेन विकसीत राष्ट्र जावपाचे दिकेन वता अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें, माल आनी सेवा कर - जीएसटी हातूंत फुडले पिळगेंतल्या सुदारणांची प्रक्रिया दिवाळी पयलीं पुराय जातली

अशें  मोदी हांणी सांगलें. हाका लागून देशांतल्या सगळ्या वस्तूंचे दर उणे जातले.

प्रधानमंत्र्यानि खाजगी क्षेत्राक स्वच्छ ऊर्जा, क्वांटम तंत्रज्ञान, बॅटरी स्टोरेज, प्रगत साहित्य आणि जैवतंत्रज्ञान या क्षेत्रात संशोधन आणि विकासात गुंतवणूक वाढवपाचे आवाहन केले. हाका लागून विकसीत भारताचो संकल्प आनीक घटमूट जातलो अशें तांणी सांगलें. फुडले पिळगेंतल्या सुदारणांक लागून भारतांत उत्पादन वाडटलें, बाजारांत मागणी वाडटली, उद्देगांक नवी चालना मेळटली, नव्या रोजगाराची संद मेळटली आनी जियेवपाची आनी वेवसाय करपाची सोय वाडटली अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. भारतीय कंपनी भांडवल बाजारांतल्यान विक्रमी निधी एकठांय करतात अशें मोदी हांणी सांगलें. बँको पयलीं परस बळिश्ट जाल्यात आनी चलनवाड आनी व्याजदर उणे आसात अशें तांणी सांगलें.

चालू खात्याची तूट नियंत्रणांत आसा आनी परकी चलनाचो सांठोय बळिश्ट आसा अशें प्रधानमंत्र्यांनी सांगलें. दर म्हयन्याक लाखांनी देशी गुंतवणूकदार बाजारांत हजारांनी कोटी रुपयांची गुंतवणूक करतात अशें तांणी सांगलें. 2047 वर्सा मेरेन विकसीत राष्ट्र जावपाच्या ध्येया कडेन भारत पुराय बळग्यान वावुरता अशें तांणी सांगलें.विकसीत भारताचो आदार म्हळ्यार आत्मनिर्भर भारत. भारतान आपली पुराय 5जी प्रक्रिया देशांत विकसीत केल्या आनी देश मेड-इन-इंडिया 6जी तंत्रगिन्यानाचेर नेटान वावुरता अशें  मोदी हांणी सांगलें.

---------------------------------------------

मोदी स्पेस

मनीसजातीच्या फुडारा खातीर म्हत्वाचीं गुपीत आशिल्ल्यान, खोल अंतरिक्षांतल्या संशोधनाची तयारी करची, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी शास्त्रज्ञांक मारला. काल राष्ट्रीय अंतरिक्ष दिसा व्हिडियो संदेशांत, प्रधानमंत्री मोदी हांणी सांगलें, कि भारत पयलींच चंद्र आनी मंगळार पावला, आनी आतां आमी अंतरिक्षांतल्या खोल प्रदेशांचो सोद घेवपाची, वेळ आयल्या. अर्द क्रायोजेनिक इंजिन आनी इलेक्ट्रीक प्रोप-ल्शन अशा, ब्रेकथ्रू तंत्रगिन्यानाच्या मळार भारत नेटान फुडें वता, अशें तांणी जाहीर केलें. आमच्या शास्त्रज्ञांच्या समर्पीत यत्नांक

लागून, भारत खूब बेगीन 'गगन्यायन' मिशन सुरू करतलो आनी फुडल्या वर्सांनी आपलें स्वताचें अंतरिक्ष केंद्र बांदतलो' अशेंय तांणी सांगलें.

---------------------------------------------

फिजी पीएम भारत भेट

फिजीचे प्रधानमंत्री, सिती-वेनी लिगा-मामादा राबुका आयज सावन, तीन दिसांच्या भारताक भोंवडेर येतले. आयज सकाळीं तेनवी दिल्लीत पावले. राबुका हांकां ईशान्य प्रदेशाचे शिक्षण राज्य मंत्री सुकांत मजुमदार हांणी, तांका विमानतळार येवकार दिलो. वांगडा तांची घरकान्न सुलु-एटी राबुका लेगीत आसात. ह्या शिश्टमंडळांत भलायकी आनी वैजकी सेवा मंत्री रातु आटो-नियो लाला-बालावु आनी वरिश्ठ अधिकारी हांचो आस्पाव आसा. परराश्ट्र मंत्रालयान एका निवेदनांत म्हणलां की, सध्या प्रधानमंत्री रबुका हांची ही, पयली भारत भेट आसा. नवी दिल्ली भेटी वेळार फिजी प्रधानमंत्री फाल्यां, प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांचे कडेन उलोवणी करपाचे आसात. तशेंच राष्ट्रपती द्रौपदी मुर्मू हांची भेट घेवपाचे आसात. भारत आनी फिजी हांचे मदीं, बऱ्याच काळासावन चलत आयिल्ल्या टिकपी संबंदांचेर, हे भेटींत भर दिला. सगळ्या क्षेत्रांतले द्विपक्षीय संबंद आनीक घटमूट करपाची आनी लोकांमदले लागींचे संबंद खोलायेन वाडोवपाची, दोनूय देशांची वचनबद्धताय आसा.

---------------------------------------------

Amit Shah

गृहमंत्री अमित शाह आयज दिल्ली विधानसभेंत दोन दिसांच्या अखिल भारतीय अध्यक्ष परिशदेचें उक्तावण करतले. विठ्ठलभाई पटेल हांणी देशांतलो पयलो वेंचून आयिल्लो सभापती म्हूण केंद्रीय विधानसभेचो अध्यक्ष म्हणून पदभार स्वीकारलो तांच्या शताब्दीनिमित्त ही परिशद घडोवन हाडल्या. तातूंत 29 राज्यांच्या विधानसभांचे अध्यक्ष आनी स राज्यांचे विधान परिषदांचे अध्यक्ष आनी उपाध्यक्ष वांटो घेतले. स्वातंत्र्य संघर्शांतल्या विठ्ठलभाई पटेलाच्या

जिविताचेर, संसदीय योगदानाचेर आनी भुमिकेचेर आदारीत प्रदर्शन, खाशेलो डॉक्युमेंटरी आनी यादस्तीक टपाल तिकिट जारी करतले अशी म्हायती दिल्ली विधानसभा अध्यक्ष विजेंद्र गुप्ता हाणी दिली. परिशदेच्या निमाण्या अधिवेशनाचे अध्यक्षपद लोकसभेचे अध्यक्ष ओम बिर्ला करतले अशी म्हायती गुप्ता हाणी दिली. राज्यसभेचे उपाध्यक्ष हरिवंश नारायण सिंग, केंद्रीय मंत्री गजेंद्र सिंग शेखावत आनी किरेन रिजिजू, आदले लोकसभा अध्यक्ष मीरा कुमार, दिल्लीचे नायब राज्यपाल विनय कुमार सक्सेना आनी दिल्लीच्यो मुख्यमंत्री रेखा गुप्ता मुखेल वक्ते म्हूण ह्या कार्यावळींत वांटो घेतली.

---------------------------------------------

पोस्ट खाते

संचारण मंत्रालयाच्या अंतर्गत, भारताच्या टपाल खात्यान ह्या म्हयन्याच्या 25 तारखे सावन, अमेरिकेंत वचपी सगले टपाल लेख, तात्पुरते स्थगीत करपाचो निर्णय घेतला. अमेरिकेच्या सरकारान दिल्ल्या कार्यकारी आदेशा उपरांत हो निर्णय घेतला. जाचे खाला 800 डॉलर मेरेन मोलाच्या वस्तूं खातीर, शुल्क मुक्त सुट, ह्या म्हयन्याच्या 29 तारखे सावन लागू जातली.

---------------------------------------------

Uttarakhand

उत्तराखंडांतल्या थराली, चमोली शारांनी हुंवाराच्या पावसाक लागून विध्वंस जाल्ल्यान मदत आनी बचाव कार्यावळ पुरायपणान सुरू आसा. 150 परस चड लोकांक बाधित वाठारांतल्यान भायर काडल्यात. आपत्ती निवारण कार्यावळींचो नियाळ घेतले उपरांत मुख्यमंत्री पुष्कर सिंग धामी हाणी अधिकाऱ्यांक बेगोबेग मजत करपाचे निर्देश दिले. ज्या कुटुंबांचीं घरां नश्ट जाल्यांत आनी नात्यांतल्या लोकांक मरण आयलें तांकां दरेकीं पांच लाख रुपया लुकसाण भरपाय दिवपाची घोशणा तांणी केली. तशेंच मदत साहित्याची वेळार पुरवण करपाची खात्री करून स्थलांतरीत जाल्ल्या लोकांक तात्पुरत्या पुनर्वसनाची वेवस्था करपाक मुख्यमंत्र्यान अधिकाऱ्यांक निर्देश दिला. बाधित वाठारांनी वीज आनी मोबायल सेवा परतून सुरू जाल्या अशें जिल्लो दंडाधिकारी संदीप तिवारी हांणी सांगलें.

मजगतीं, हवामान खात्यान आयज आनी फाल्यां राज्यांतल्या जायत्या वाठारांनी व्हड प्रमाणांत पावस पडपाची orange अलर्ट जारी केल्या.

---------------------------------------------

Shooting

कझाकस्तानांतल्या शिमकेंट शारांत जाल्ले सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत भारतान वरिश्ठ, कनिश्ट आनी तरणाटे विभागांतल्या 10 मीटर एअर रायफल मिक्स टीम सर्तींत तीन भांगरा पदकां जिखल्यात. हाचे वांगडा भारत 23 भांगरा, 08 रुप्या आनी 10 कांस्य पदकां सयत वट्ट 41 पदकां घेवन पयल्या क्रमांकाचेर आसा. वरिश्ठ विभागांत एलावेनिल वलारिवन आनी अर्जुन बाबूता हांणी फायनलींत चीनाक 11 आड 17 गूणांनी हारयलो. कनिश्ट विभागांत शंभवी क्षीरसागर आनी नारायण प्रणव हांणी चीनी पंगडाक 16-12 अशी मात केली. तरणाट्यांच्या विभागांत अमीरा अरशद आनी अंश दबास हांणी कोरियाक 16-12 अशी मात करून भांगरा पदक जिखलें.

---------------------------------------------

टेनिस

न्यूयॉर्कांतल्या USTA Billie Jean King नॅशनल टेनिस सेंटरांत आयज, अमेरिकन उक्त्या टेनिसाची 145वी आवृत्ती सुरू जातली. दादल्यांच्या एकोड्या सर्तींत, संवसारीक पयलो क्रमांक आनी डिफेंडिंग चॅम्पियन इटलीचो जॅनिक सिनर, फुडारपण करतलो. दुसऱ्या क्रमांकावेलो स्पेनचो कार्लोस आल्काराझ, चार फावटीं अमेरिकन ओपनचो विजेतो नोवाक जोकोविच आनी जर्मनीचो अलेक्झांडर Zverev हे खेळगडे, हे सर्तींत खेळतले.

---------------------------------------------

हवामान

उदेंत राजस्थानात आयज, घोग्यांनी पावस पडपाची भारतीय हवामान खात्यान रेड अलर्ट जारी केला. हरियाणा, चंडीगढ, दिल्ली, उत्तराखंड, राजस्थान, उदेंत मध्य प्रदेश

आनी गुजरात वाठारांत पावस पडपाचो अदमास आयएमडीन केला. आयएमडीच्या म्हणण्या प्रमाण बिहार, झारखंड, छत्तीसगढ़, हिमाचल प्रदेश, पंजाब, उत्तर प्रदेश, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, कोंकण, गोंय, मध्य महाराष्ट्र, नागालँड, मणिपूर, ह्या वाठारांनी एकसुरे सुवातेर, आयज पावस पडपाक शकता. बिहार, अस्तंत बंगाल, जम्मू-काश्मीर, लद्दाख, कर्नाटक, तेलंगणा, अंदमान आनी निकोबार जुंवे आनी अस्तंत मध्य प्रदेशात, आयज एकसुरे सुवातेर, वादळी वारें आनी जगला संयत, गडगड मारपाचो अदमास, हवामान खात्यानं जारी केला.

---------------------------------------------

**आता खबरो सोपोवच्या आदी, परतून एक फावट आयच्यो मुखेल खबरो**

- **रिफॉर्म, परफॉर्म आनी ट्रान्सफॉर्म ह्या मंत्राचेर भारत देश, संवसाराक मंदींतल्यान भायर काडपाचे स्थितींत आसा, अशे प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हांणी सांगलां**
- **खोल अंतरिक्ष संशोधनाची तयारी करची, असो उलो प्रधानमंत्री नरेंद्र मोदी हाणी शास्त्रज्ञांक मारला.**
- **फिजीचे प्रधानमंत्री, सिती-वेनी लिगा-मामादा राबुका, तीन दिसांच्या भारत भोंवडेर आयज सकाळीं, नवी दिल्लीत पावले.**
- **गृहमंत्री अमित शाह आयज दिल्ली विधानसभेंत, दोन दिसांच्या अखिल भारतीय स्पिकर्स परिशदेचें, उक्तावण करतले.**
- **कझाकस्तानांत सोळाव्या आशियाई शूटिंग चॅम्पियनशिपांत, भारतान वरिश्ठ, कनिश्ट आनी तरणाटे विभागांतल्या 10 मीटर एअर रायफल मिश्र गट सर्तींत, तीन भांगरा पदकां जिखल्यात.**
- **भारतीय हवामान खात्यान आयज उदेंत राजस्थानात, घोग्यांनी पावस पडपाचो रेड अलर्ट जारी केला.**

---------------------------------------------